## वास्को प्रजासत्ताक दीस उमेदीन मनयलो

ता. 27 जानेवारी 2020

मुरगांव तालुका पावंड्याचेर 71 वो भारतीय प्रजासत्ताक दीस मोठ्या उत्साहान आनी उमेदीन मनयलो. वास्को शारांतल्या टिळक मैदानाचेर जाल्ल्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात येरादारी मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी राष्ट्रीय तिरंगो हुबोवन पुलीस आनी विद्यार्थ्यांच्या संचलनाची पळोवणी केली आनी मानवंदना स्विकारली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गुदिन्हो हांणी प्रजासत्ताक दीस हो आमी केल्ल्या प्रगतीचो नियाळ करून फुडल्या विकासाची दिका थारावपाक योग्य प्रसंग आशिल्ल्याचे सांगून प्रजासत्ताक दीसा नवी दिल्लीच्या राजपथार देशातले प्रत्येक राज्य आपल्या चित्ररथा वरवीं सांस्कृतीक वारशा वांगडाच विकासाचेय प्रदर्शन घडयता, अशें म्हणले.

श्री. गुदिन्हो हांणी गोंयच्या लोकांक समाज आनी देशविरोधी प्रचाराक बळी पडनासतना एकजूट, शांतीकाय आनी सलोखो राखून राज्याच्या विकासा खातीर सरकाराक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं लोकनाच, संचलन, निबंध आनी पोस्टर पेंटिंग सर्तींतल्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/82

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA